TRANSLATED COPY

**(इंग्लीशींत टंकलिखीत केल्ल्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी अणकार)**

[2023] 3 एस. सी. आर. 321

केंद्रीय अन्वेशण विभाग

वि.

विकास मिश्रा उर्फ विकाश मिश्रा

(फौजदारी अपील क्र. 957/2023)

10 एप्रील 2023.

**[एम. आर. शहा आनी सी. टी.रविकुमार, न्या.]**

फौजदारी प्रक्रिया संहिता, 1973 – कलम 167 (2) – आपोआप (डिफॉल्ट) जामिना खातीर अर्ज – वर्तणुके वरवीं न्यायालयीन प्रक्रियेची निश्फळता – प्रतिवादीचेर भारतीय दंड संहितेच्या कलम 409/120बी खाला गुन्यांव केल्ल्याचो आरोप आशिल्लो – तारीख 16.04.2021 दिसा प्रतिवादी- आरोपीक सीबीआयन अटक केली आनी ताका सात दिसांच्या कालावधी खातीर म्हणल्यार तारीख 22.04.2021 मेरेन सीबीआय कोठडींत धाडूंक सांगलो – पूण, त्या कालावधींत प्रतिवादी – आरोपीक हॉस्पिटलांत दाखल केलो आनी ताका लागून, सीबीआय कडल्यान ताची चवकशी जावूंक पावली ना – ताचे उपरांत, ताणें तारीख 21.04.2021 दिसा अंतरीम जामीन मेळयलो, जो, तारीख 08.12.2021 मेरेन वाडयलो- उपरांत, आरोपीक खास निर्देश दिवनूय तो खास न्यायालया मुखार हाजीर रावूंक ना – आरोपीक परत अटक केली आनी न्यायालयीन कोठडींत धाडलो, पूण, त्या कालावधींत ताणें स्वताक परत हॉस्पिटलांत दाखल करून घेतलो. – 90 दिसांचे विहीत मुदतींत आरोपपत्र/अहवाल दाखल करूंक नाशिल्ल्यान फौजदारी प्रक्रिय संहितेच्या कलम 167 (2) खाला आरोपीन डिफॉल्ट जामिना खातीर अर्ज दाखल केलो – अर्ज

नामंजूर केलो – पूण, उच्च न्यायालयान अर्ज मंजूर केलो आनी फौ. प्र. सं. च्या कलम 167 (2) खाला, प्रतिवादीक वैधानीक / डिफॉल्ट जामिनाचेर सोडपाचे निर्देश दिल्यात – अपिलांत, असो निर्णय दिलोः सीबीआय प्रतिवादी – आरोपीन आपले वागणुकेन न्यायालयीन प्रक्रियेक निश्फळ केली – ही गजाल निर्विवाद आसा काय, सत्य उक्ताडार हाडूंक, तपास यंत्रणेक मेळपी कोठडींतलो चवकशीचो / तपासाचो अधिकार, हो खूब म्हत्वाचो अधिकार आसा, जाका आरोपीन जाणा जावन आनी यशस्वी रितीन निश्प्रभ करपाचो यत्न केला – प्रतिवादीची चार दिसांच्या कालावधी खातीर पुलीस कोठडी घेवपाची परवानगी सीबीआयक दिली.

**अपील मंजूर करताना न्यायालयान**

**असो निर्णय दिलोः 1. उरिल्ल्या सात दिसांच्या कालावधी खातीर पुलीस कोठडी दिवपाची सीबीआयची विनंती विचारांत घेताना, अशे तरेन खास न्यायाधिशांनी तारीख 16. 04. 2021 दिसा प्रतिवादी – आरोपीक सात दिसांची कोठडी दिल्ली, हे गजालीची नोंद घेवप गरजेची आसा. ताका लागून, सात दिसांची कोठडी दिवपाच्या आदेशाक निमाणें स्वरूप आयिल्लें. मात, अशें जालें, सात दिसांची कोठडी सोंपचे आदीं आनी सीबीआयन पुराय सात दीस चवकशेचो अधिकार वापरचे आदीं, जो विद्वान खास न्यायाधिशांनी पारीत केल्ल्या आदेशा प्रमाणें सीबीआयक उपलब्ध आशिल्लो, प्रतिवादी – आरोपीन तारीख 18.04.2021 दिसा स्वताक हॉस्पिटलांत दाखल करून घेतलो. तारीख 21.04.2021 दिसा विद्वान खास न्यायाधिशांनी आरोपीक अंतरीम जामीन मंजूर केलो. ताका लागून, कायद्याच्या सुस्थापीत स्थिती प्रमाणें, एकदा जामीन /अंतरीम जामीन दिले उपरांत, त्या कालावधींत पुलीस कोठडी मेळूंक शकना. ताका लागून, पुलीस कोठडी आसताना, पुराय सात दिसांत सीबीआयक प्रतिवादी – आरोपीची चवकशी करूंक मेळूंक ना, जाचो सीबीआयक अधिकार आशिल्लो. ताचे उपरांत, अंतरीम जामिनाच्या काळांत आरोपी वेळवार हॉस्पिटलांतच आशिल्लो आनी जामिनाक वेळवार मुदतवाडय दिल्ली. ताचे उपरांत, तारीख 08.12.2021 दिसाच्या आदेशा वरवीं, प्रतिवादी – आरोपीन अंतरीम जामिनाचो गैरवापर**

केलो, तपासांत सीबीआयक सहकार्य करूंक ना आनी ताका हॉस्पिटलांत दाखल करपाचें कसलेंच वैध कारण ना अशें निरिक्षणाची नोंद करून खास न्यायाधिशांनी अंतरीम जामीन रद्द केलो. आरोपीचें असहकार्य लक्षांत घेवन, न्यायालयीन कोठडी /पुलीस कोठडींत आरोपीची चवकशी करप गरजेचें आसा, अशेंय निरिक्षण खास न्यायाधिशांनी नोंदयलें. [परि. 6] [ 327 – बी-एफ]

2. तारीख 16.04.2021 दिसा खास न्यायाधिशांनी प्रतिवादी- आरोपीक सात दिसांची म्हणल्यार तारीख 22.04.2021 मेरेन पुलीस कोठडी मंजूर केल्ली आसतानाय, प्रतिवादी- आरोपीन पुलीस कोठडीच्या कालावधींत म्हणल्यार तारीख 18.04.2021 दिसा स्वताक हॉस्पिटलांत दाखल करून घेतलो आनी तारीख 21.04.2021 दिसा अंतरीम जामीन मेळयलो, जो तारीख 08.12.2021 मेरेन वाडयलो. आरोपीन ताका मेळिल्ले मेकळीकेचो गैरवापर केलो आनी अंतरीम जामिनाच्या कालावधींत ताणें तपास यंत्रणेक सहकार्य केलें ना अशा निरिक्षणाची नोंद करून खास न्यायाधिशांनी ताचो अंतरीम जामीन रद्द केलो. पुनरावृत्तीचो धोको आपणावन सात दिसांची पुलीस कोठडी दिवपाच्या प्राथमीक आदेशाक अंतीम स्वरूप प्राप्त जाल्लें अशा निरिक्षणाची नोंद केली. मात, आरोपीन, तारीख 18.04.2021 दिसा स्वताक हॉस्पिटलांत दाखल करून घेतलो आनी ताचे उपरांत तारीख 21.04.2021 दिसा अंतरीम जामीन मेळयलो ह्या वयल्या कारणांक लागून आपले बाजून वैध आदेश आसून लेगीत, सीबीआयक पुलीस कोठडींत आरोपीची चवकशी करूंक मेळूंक ना. अशे तरेन, विद्वान खास न्यायाधिशांनी दिल्ले पुलीस कोठडीच्या आदेशाची अंमलबजावणी प्रतिवादी – आरोपीन यशस्वी रितीन टाळ्ळी. खंयच्याच आरोपीक तपास आनी/ वा न्यायालयाचे प्रक्रिये कडेन खेळ करपाची परवानगी दिवूंक शकना. खंयच्याच आरोपीक ताचे वागणुकेन न्यायालयीन प्रक्रिया निश्फळ करपाची परवानगी दिवूंक मेळना. सत्य उक्ताडार हाडूंक, तपास यंत्रणेक मेळपी कोठडींतलो चवकशी / तपासाचो अधिकार हो लेगीत खूब म्हत्वाचो अधिकार आसा, जाका आरोपीन जाणा जावन आनी यशस्वी रितीन निश्प्रभ करपाचो यत्न केला, ही बाब निर्विवाद आसा. ताका लागून, सीबीआयक उरिल्ल्या सात दिसाच्या कालावधी खातीर पुलीस कोठडींत चवकशी करपाची परवानगी दिवूंक ना जाल्यार,

**न्यायालयीन प्रक्रिया निश्फळ थारावूंक यशस्वी थारिल्ल्या आरोपीक उत्तेजन मेळटलें.[परि. 8] [ 330 – डी - एच]**

केंद्रीय अन्वेशण विभाग वि. अनुपम जे. कुलकर्णी **(1992) 3 एस. सी. सी 141: [1992 ] 3 एस. सी. आर 158 – फेरविचार आवश्यक.**

बुधसिंग वि. पंजाब राज्य **(2000) 9 एस. सी. सी. 266 – संदर्भीत.**

**<u>निर्णय विधी संदर्भ</u>**

| | | |
|---|---|---|
| **[1992 ] 3 एस. सी. आर 158** | **फेरविचार आवश्यक** | **परि. 5.1** |

फौजदारी अपिलीय अधिकारक्षेत्र: फौजदारी अपील क्र. 957 / 2023.

सी.आर. एम. (डी.बी.) क्र. 1638 / 2022 मदल्या कलकत्ता उच्च न्यायालयाच्या तारीख 30.09.2022 दिसाच्या न्यायनिवाडो आनी आदेशा वयल्यान.

तुषार मेहता, महान्यायअभिकर्ता, श्रीमती ऐश्वर्या भाटी, अति. महान्यायअभिकर्ता, कानू अगरवाल, वत्सल जोशी, श्रीमती अमेयविक्रम थानवी, श्रीमती दीपाबली दत्ता, अरविंद कुमार शर्मा, अपीलकर्ताचे वकील.

प्रतिवादी खातीर वकील - नीरज किशन कौल, वरिश्ठ वकील, रजत सेहगल, अभिर दत्त, अनुराग रावल, देबयान गंगोपाध्याय, श्रीमती आरजू अनेजा, सम्यक जैन.

न्यायालयाचो न्यायनिवाडो **एम. आर. शहा, न्या.** हांणी दिलो.

1. फौजदारी किरकोळ अर्ज क्र. 1638/2022 उच्च न्यायालयाच्या खंडपिठान तारीख 30.09.2022 दिसा पारीत केल्लो न्यायनिर्णय आनी आदेश, जाचे वरवीं, फौजदारी प्रक्रिया संहितेच्या (फौ. प्र. सं.)कलम 167 (2) खाला, प्रतिवादी – आरोपीची वैधानीक / आपोआप

(डिफॉल्ट) जामिनार सुटका करपाचे निर्देश दिल्यात, त्या न्यायनिवाडयाचेर आनी आदेशाचेर निर्शेवन आनी असमाधानी जावन केंद्रीय अन्वेशण विभागान (सीबीआय) प्रस्तूत अपील दाखल केली.

2. प्रस्तूत अपिला खातीर कारणीभूत आशिल्लीं तथ्यां थोडेभितर सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसातः

तारीख 27.11.2020 दिसा सीबीआयन (ए.सी.बी, कलकत्ता) भारतीय दंड संहितेच्या कलम 120 –बी/ 409 खाला आनी भ्रश्टाचाक प्रतिबंधक अधिनेमाच्या संबंदीत तरतुदीं प्रमाणें हेर गजालीं वांगडाच ईस्टर्न कोलफिल्ड लिमिटेड, सी.आय.एस.एफ, रेल्वे आनी हेर अधिकाऱ्यां आड गुन्यांव केल्ल्या बद्दल एफ. आय. आर / तक्रार दाखल केली. तारीख 16.04.2021 दिसा प्रतिवादी- आरोपी विकास मिश्रा हाका सीबीआयन अटक केली आनी ताका सात दिसांच्या कालावधी खातीर म्हणल्यार तारीख 22.04.2021 मेरेन सीबीआय कोठडींत धाडलो. पूण, सीबीआय कोठडीच्या ह्या कालावधींत, प्रतिवादी – आरोपी विकास मिश्रा हॉस्पिटलांत दाखल आसलो आनी ताका लागून, पुलीस कोठडींत लेगीत सीबीआयक ताची चवकशी करूंक मेळूंक ना.

2.1 तारीख 21.04.2021 दिसा विद्वान खास न्यायालयान प्रतिवादी- आरोपीची अंतरीम जामिनाचेर  सुटका केली, जाका वेळवार मुदतवाड दिली. तारीख 08.12.2021 दिसा, विद्वान खास न्यायालयान प्रतिवादी- आरोपीचो अंतरीम जामीन रद्द केलो, कारण तो खास निर्देश दिवनूय खास न्यायालया मुखार हाजीर रावूंक ना आनी ताणें सीबीआय चवकशींत सहकार्य केलें ना. तारीख 09.12.2021 दिसा आनी अंतरीम जामीन रद्द जाले उपरांत, प्रतिवादी –आरोपीक तारीख 11.12.2021 दिसा परत अटक केली आनी ताका न्यायालयीन कोठडींत धाडलो. तारीख 12.12.2021 ते तारीख 08.04.2022 ह्या कालावधींत न्यायालयीन कोठडी आसताना आरोपीन स्वताक परत हॉस्पिटलांत दाखल करून घेतलो आनी ताचे उपरांत परत तारीख 07.05.2022 ते 08.09.2022 मेरेन हॉस्पिटलांत दाखल केलो.

2.2 आरोपीन 90 दिसांच्या विहीत कालावधींत आरोपपत्र /अहवाल दाखल करूंक नाशिल्ल्यान फौ. प्र. सं. च्या कलम 167 (2) खाला **डिफॉल्ट** जामिना खातीर अर्ज सादर केलो. आरोपीक फौ. प्र. सं. च्या प्रकरण 33 च्या तरतुदीं प्रमाणें अंतरीम जामीन दिलो आनी जामीन रद्द जाले उपरांत न्यायालयान जारी केल्ल्या वॉरण्टाच्या आदारान ताका स्थानबद्द केलो, ह्या कारणान जामीन रद्द जाले उपरांत हेर गजालीं वांगडाच, आरोपीक फौ. प्र. सं. च्या कलम 167 (2) खाला कोठडींत धाडूंक नासलो, ह्या कारणान विद्वान खास न्यायाधिशांनी हो अर्ज नामंजूर केलो. तारीख 19. 07. 2022 दिसा सीबीआयन आरोपी आड आरोपपत्र दाखल केलें आनी तेच तारखेकविद्वान खास न्यायालयान ताची दखल घेतली.

2.3 आरोपी – विकास मिश्रा हांणी फौ. प्र. सं. च्या कलम 167 (2) खाला वैधानीक/ डिफॉल्ट जामिना खातीर सादर केल्लो अर्ज भायर मारलो ह्या विद्वान खास न्यायाधिशांनी पारीत केल्ल्या न्यायनिवाड्या आड आनी आदेशा आड प्रतिवादी – आरोपीन उच्च न्यायालया मुखार प्रस्तूत अर्ज दाखल केलो. आक्षेपीत न्यायनिवाड्या वरवीं आनी आदेशा वरवीं, उच्च न्यायालयान हो अर्ज मंजूर केलो, प्रतिवादीक फौ. प्र. सं. च्या कलम 167 (2) अंतर्गत वैधानीक / डिफॉल्ट जामिनाचेर सोडपाचो निर्देश दिल्यात, कारण परत अटक जाल्ले तारखे सावन म्हणल्यार तारीख 11.12.2021 सावन 90 दिसां भितर लेगीत आरोपपत्र दाखल जावूंक नासलें आनी तें फकत तारीख 19.07.2022 दिसा दाखल केलें. प्रतिवादी – आरोपी विकास मिश्रा हाका वैधानीक / डिफॉल्ट जामिनाचेर सोडपाचो निर्देश दिवपा संबंदान उच्च न्यायालयान पारीत केल्ल्या आक्षेपीत न्यायनिवाडो आनी आदेशा आड सीबीआयन प्रस्तूत अपील दाखल केली.

3. तारीख 27. 02. 2023 दिसा कळोवणी दिताना ह्या न्यायालयान सकयल दिल्ले आदेश पारीत केल्लेः

"आरोपीची कोठडींत चवकशी जावूंची, हाचे खातीर तपास यंत्रणेन केल्ल्या विनंतीचो विचार करूंक तारीख 13. 03. 2023 दिसा परत येवपी कळोवणी दिवूंची.

केविएटा (सावधानपत्र)मदल्या प्रतिवादी मार्फत विद्वान वकील श्री. रजत सहगल हांणी कळोवणी स्विकारली.

पयल्या धा गजालींनी अधिसुचीत करूंक जाय.”

4. सीबीआय मार्फत उपस्थीत आशिल्ल्या विद्वान अतिरिक्त महान्यायअभिकर्ता श्रीमती. ऐश्वर्या भाटी हांणी सीबीआयक तारीख 16.04.2021 ते तारीख 22.04.2021 ह्या सात दिसांच्या कालावधी खातीर पुलीस कोठडी मेळिल्ली असो युक्तीवाद केला. पूण, आरोपीन स्वताक पयलीं हॉस्पिटलांत दाखल करून घेतलो आनी ताचे उपरांत अंतरीम जामीन मेळयलो, जो उपरांत तारीख 08.12.2021 दिसा रद्द केलो, ताका लागून, सीबीआयक पुलीस कोठडीचो उपेग करूंक मेळूंक ना, जाचे खातीर तारीख 16.04.2021 दिसा विद्वान खास न्यायाधिशांनी परवानगी दिल्ली अशें सादर केलें.

4.1 ताका लागून, सात दिसांची पुलीस कोठडी मंजूर करपाच्या आदेशाक निमाणें स्वरूप प्राप्त जाल्ल्यान, सीबीआयक उरिल्ल्या सात दिसांच्या कालावधी खातीर पुलीस कोठडी दिवूंची अशें सादर केलें.

4.2 अशेच रितीन, सगळे प्रतिवादी –आरोपी खंयच्या ना खंयच्या कारणान स्वताक हॉस्पिटलांत दाखल करून घेवूंक यशस्वी जाले आनी ताका लागून, विद्वान खास न्यायाधिशांनी मंजूर केल्ल्या कोठडीचो आदेश यशस्वी रितीन निश्फळ थारलो, अशें सादर केलें. न्यायालयाची प्रक्रिया निश्फळ करपाची परवानगी कोणाकूच दिवूंक शकना, अशेंय तांणी सादर केलो.

4.3 वयलो युक्तीवाद करताना प्रतिवादी- आरोपीची उरिल्ली सात दिसांची कोठडी दिवूंची, जी प्रतिवादीन स्वताक हॉस्पिटलांत दाखल करून घेतिल्ल्यान आनी ताची अंतरीम जामिनाचेर सुटका जाल्ल्यान, सीबीआयक वापरूंक मेळूंक नासली, अशें वयलें निवेदन करून अशी विनंती केल्ली.

5. प्रस्तूत अर्ज आनी सीबीआयचे फुडले कोठडीचे विनंतीक प्रतिवादी – आरोपीचे मार्फत उपस्थीत मानादीक ज्येश्ठ वकील श्री. नीरज किशन कौल हांणी ताचो खर विरोध केला.

5.1 **केंद्रीय अन्वेशण विभाग वि. अनुपम जे. कुलकर्णी ह्या (1992) 3 एस. सी. सी. 141 त प्रकाशीत जाल्ल्या** आनी ताचे उपरांत **बुधसिंग वि. पंजाब राज्य ह्या (2000) 9 एस. सी. सी. 266 त प्रकाशीत जाल्ल्या** ह्या न्यायालयाच्या निर्णयाचेर भिस्त दवरून आरोपींचे मार्फत उपस्थीत विद्वान ज्येश्ठ वकील श्री. नीरज कौल हांणी, अशे प्रकारचे अटकेचे तारखे सावन पयल्या 15 दिसांच्या भायर पुलीस कोठडी मंजूर करूंक / दिवूंक शकना अशें ठामपणान सादर केलें. ताका लागून, आतां अटकेचे तारखे सावन 15 दिसांच्या कालावधी परस चड आसपी पुलीस कोठडी मान्य ना, असो युक्तीवाद केलो.

5.2 प्रस्तूत प्रकरणांत प्रतिवादी- आरोपीची भलायकी गंभीर आनी नाजूक आशिल्ल्यान ताका वेळवार हॉस्पिटलांत दाखल केल्लो, अशेंय तांणी फुडें सादर केलें. तारीख 18.04.2021 दिसा प्रतिवादीची भलायकी चड इबाडिल्ली, ताका लागून ताका अपीलकर्ता अभिकरणानूच हॉस्पिटलांत दाखल केलो, अशें तांणी फुडें सादर केलें. ताचे उपरांत तारीख 20.04.2021 दिसा ताका बऱ्या उपचारा खातीर आनी वैजकीय सुविधां खातीर दुसऱ्या सरकारी हॉस्पिटलांत व्हेलो, अशें तांणी सादर केलें. आरोपीन आपली कोठडी टाळूंक तारीख 18.04.2021 दिसा स्वताक हॉस्पिटलांत दाखल करून घेतलो ह्या तपास यंत्रणेच्या मार्फत सादर केल्ल्या युक्तीवादान कसलेंच तथ्य ना अशें तांणी फुडें सादर केलें.

5.3 तशेंच, जेन्ना प्रतिवादीक हेर एका प्रकरणांत तारीख 08.04.2022 ते तारीख 18.04.2022 ह्या कालावधींत पुलीस कोठडींत धाडलो, त्या वेळार सद्याचे कोठडींतल्या कालावधींत लेगीत ताची सखोल चवकशी केली, अशेंय फुडें सादर केलें. अंतरीम जामिनाचेर आसताना प्रतिवादी- आरोपीची चवकशी केल्ली अशेंय तांणी सादर केलें. ताका लागून, प्रतिवादी- आरोपीक पुलीस कोठडींत धाडचो, अशी आतां सीबीआय मार्फत केल्ली विनंती मान्य करची न्हय, असो युक्तीवाद केलो.

5.4 आरोपीचे मार्फत बाजू मांडपी विद्वानज्येश्ठ वकील नीरज किशन कौल हांणी सहआरोपींनी दाखल केल्ली खास अनुमती याचिका (फौजदारी) क्रमांक 1620 – 1621/ 2021 लांबणेर आशिल्ले बाबतींत आमचें लक्ष ओडून घेतलां, जांतूत सीबीआयच्या तपासाकूच आव्हान दिलां आनी ते खास अनुमती याचिकेंतल्या याचिकाकर्ता आड कसलींच कडक पावलां उखलूंक जायना असो ह्या न्यायालयान अंतरीम आदेश दिल्लो.

5.5 वयलें निवेदन करून प्रस्तूत अपील भायर मारची अशी विनंती केली.

6. आमी संबंदीत पक्षांच्या विद्वान वकिलांचें म्हणणें सविस्तरपणान आयकलां.

उरिल्ल्या सात दिसांचे पुलीस कोठडीचे सीबीआयचे विनंतीचेर विचार करताना, अशे रितीन विद्वानखास न्यायाधिशांनी तारीख 16.04.2021 दिसा प्रतिवादी- आरोपीक सात दिसांची पुलीस कोठडी दिल्ली. ताका लागून, सात दिसांची पुलीस कोठडी दिवपाच्या आदेशाक निमाणें स्वरूप प्राप्त जाल्लें, हाची नोंद घेवप आवश्यक आसा. मात, सात दिसांची पुलीस कोठडी सोंपचे आदीं आनी सीबीआयन पुराय सात दीस चवकशेचो अधिकार वापरचे आदीं, जो विद्वान खास न्यायाधिशांनी पारीत केल्ल्या आदेशा प्रमाणें सीबीआयक उपलब्ध आशिल्लो, प्रतिवादी – आरोपीन तारीख 18.04.2021 दिसा स्वताक हॉस्पिटलांत दाखल करून घेतलो. तारीख 21.04.2021 दिसा विद्वानखास न्यायाधिशांनी आरोपीक अंतरीम जामीन मंजूर केलो. ताका लागून, कायद्याचे सुस्थापीत स्थिती प्रमाणें एकदा / अंतरीम जामीन दिले उपरांत, त्या कालावधींत पुलीस कोठडी मेळूंक शकना. म्हणून, पुलीस कोठडींत आसतना पुराय सात दिसांत सीबीआयक प्रतिवादी- आरोपीची चवकशी करूंक मेळूंक ना, जाचो सीबीआयक अधिकार आसलो. ताचे उपरांत, अंतरीम जामिनाच्या काळांत आरोपी चड काळ हॉस्पिटलांतूच आसलो आनी जामिनाक वेळवार मुदतवाडूय दिल्ली. ताचे उपरांत, तारीख 08.12.2021 दिसाच्या आदेशा वरवीं, प्रतिवादी – आरोपीन अंतरीम जामिनाचो दुरुपेग करून तपासांत सीबीआयक सहकार्य करूंक ना आनी ताका हॉस्पिटलांत दाखल करपाचें कसलेंच वैध कारण नासलें अशें निरिक्षण नोंद करून विद्वान खास न्यायाधिशांनी अंतरीम जामीन रद्द केलो. आरोपींचें असहकार्य लक्षांत घेताना, न्यायालयीन

कोठडी/ पुलीस कोठडींत आरोपींची चवकशी करप आवश्यक आसा, अशें निरिक्षण विद्वानखास न्यायाधिशांनी नोंदयलें. तारीख 08.12.2021 दिसाच्या अंतरीम जामीन रद्द करपाच्या आदेशांत विद्वानखास न्यायाधिशांनी केल्लीं कांय निरिक्षणां म्हत्वाचीं आसात, जीं सकयल दिल्ले प्रमाणें आसातः

"दोनूय बाजूचें म्हणणें आयकून घेतलां, सीडी आनी प्रकरणाच्या अभिलेखा मदल्या सामुग्रीचें अवलोकन केलां आनी तें विचारांत घेतलां.

सकयल दिल्ले प्रस्ताव सादर केल्यात आनी आरोपी व्यक्तीन खंयच्याच पुराव्यान फेरफार करपाचो यत्न केल्लो ना वा तो न्याया पसून पळून वचपाची शक्यताय ना अशें मान्य केल्ल्याचें दिसून येता. अभिनिर्णया खातीर आशिल्ल्या प्रस्तूत विनंतीचो एकमेव आदार असो आसा, आरोपी, व्यक्तीन तपास यंत्रणे मुखार हाजीर आसतना सहकार्य करिनासतना, जाणां जावन तपासाची प्रगती थांबयली. ताचे खातीर हो आरोप कितलो सत्य आसा आनी ह्या आरोपी व्यक्तीच्या अशा कथीत असहकार्याक लागून ताच्या जामिनाचें स्वातंत्र्य काडूनघेवपा खातीर आनी फौ. प्र. सं. च्या कलम 437 (5) चो वापर करून ताका परत कोठडींत दवरूंक फावोशें कारण आसा काय, हाची विस्कटावणी करूंक हांव हांगा आसां. जामिनार आसतना आरोपी व्यक्ती आनी तपास अधिकारी हांचे भितर वेग-वेगळेतारखेर जाल्ल्या लिखीत स्वरुपांतलें संभाशण हांवें काळजीपूर्वक पळयलां. ताका विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो लेगीत, खंयच्याय प्रकारान तपासा मजगतीं तपास अधिकाऱ्यान एकठांय केल्ल्या कागदोपत्री पुराव्यांच्या मजकुराक पुश्टी दिवूंचे दिकेन नात. फौ. प्र. सं. च्या कलम 161 आनी 164 खाला नोंद केल्ल्या साक्षिदारांचे जवाब आनी लेखा विवरणपत्र, आनी हेर एकठांय केल्ले कागदोपत्री पुरावे हे अनवळखी वा अज्ञान संस्थांक व्हड रक्कम दिवूंक आरोपी व्यक्ती थेट वांटेकार आशिल्ल्याचें उघड करता. सीडी वयल्यान जें मुखार आयलां, ताचे वयल्यान ह्या पयशांच्या वेव्हाराचो थेट संबंद एफ.आय.आर. मदल्या आरोपीं कडेन, मागीर ते लोकसेवक आसूं वा नासूं, ताचे कडेन आसा. जो मेरेन हे तपशील मुखार येनात, तो मेरेन तपासांत व्हड आडमेळीं निर्माण जातलीं आनी पुराय सत्य केन्नाच

मुखार येवूंचें ना, हें सर्वसमामान्य विवेकी मनीस लेगीत समजूंक शकता. अशे परिस्थितींत म्हाका अशें दिसता, न्यायालयीन स्थानबद्दता आनी आरोपी व्यक्तीची कोठडींतली चवकशी हांचो अवलंब करप गरजेचो आसा. हें असहकार्य जाणा जावन सक्रीय आनी पुर्वनियोजीत आसा आनी आरोपी व्यक्तीन फकत वैजकीय कारणान मेळयिल्ल्या जामिनाच्या स्वातंत्र्याचो जाणा जावन गैरवापर केला अशें गृहीत धरूंक हें पुरेशें आसा, अशेंय म्हाका पट्टा. म्हज्या आकलना प्रमाणें, हें स्वातंत्र्य फुडें सुरू दवरपाची परवानगी दिल्यार भौशीक न्यायाचो मुद्दो नक्कीच पराभूत जातलो. गुन्यांवाचें स्वरूप आनी गांभीर्य, आरोपी व्यक्तीक अंतरीम जामीन दिवूंचे आदीं आनी दिले उपरांत एकठांय केल्ल्या पुराव्यांचें स्वरूप, सद्याची परिस्थिती आनी तपासांत मजत करूंक जाणीवपूर्वक अनिच्छा दर्शवपी आरोपी व्यक्तीची सुचक कृती आनी जनतेचें आनी राष्ट्राचें हीत – हें सगळें एकत्रीतपणान, आरोपी व्यक्तीक तारीख 21. 04. 2021 दिसा मंजूर केल्ल्या अंतरीम जामिनाचें स्वातंत्र्य, जाका आयज वेर मेरेन मुदतवाड दिल्ली, हाचे फुडें उपभोगपाची परवानगी दिवूंक जायना, ह्या न्यायालयीन निश्कर्शां मेरेन येवूंक म्हाका प्रवृत्त करता. आरोपी व्यक्तीच्या विद्वान वकिलांनी ज्या पुर्वोदारणांचो आदार घेतला, ते सगळे प्रस्तूत प्रकरणाच्या तथ्यात्मक स्थितीं परस वेगळ्यो आसात आनी म्हणून, तांच्या स्वतंत्र उल्लेखाची आवश्यकता ना. आरोपी व्यक्तीन पुरवण केल्ल्या कागदपत्रां वयल्यान जंय आरोपी व्यक्तीचे सद्याचे भलायकीचो संबंद आसा, तर अंतरीम जामीन मेळयतना ताची भलायकी जे स्थितींत आसली, ताचे परस ताची भलायकी बरी आशिल्ल्याचें स्पश्ट जाता, अर्थातच, दोतोरांनी शारिरीक आनी मानसीक तणावा पसून पयस रावपाचो सल्लो दिला. पूण, फकत इतलीच गजाल ताका बंदखणीच्या कडकपणा सावन वांचोवंक शकना, जांतूत तो आसूंक जाय, जर तें दुयेंस तितलें व्हडलें नासलें, तर ताका अंतरीम जामीन मेळचो नासलो. आरोपी व्यक्तीच्या विद्वान वकिलांनी विनंती केल्ले प्रमाणें आरोपी योग्य प्रकारान हालचाल करूंक, विचार करूंक वा उलोवपाक फावो तसो सक्षम ना, अशेंधरपा सारकें वैजकीय कागदपत्रांनी कितेंच ना. हाचे उलट, आरोपी व्यक्तीक हो खटलो सुरू जांवचे आदीं पसुनूच लिव्हरसिरोसिसच्या त्रासाक लागून भलायकी इबाडटाली हें मुखार आयलां. ताचे खातीर

हें न्यायालय ताच्या दीर्घकालीन दुयेंसाक लागून केल्ले विनंतीक लागून सत्या कडेन आडनदर करूंक शकना.

आयज रातीं 12 जावन 10 मिणटांचेर ताणें स्वताक अपोलो हॉस्पिटलांत हालयलो, जंय तांची तपासणी केली आनी तज्ञ पल्मोनॉलॉजिस्टाच्या देखरेखी खाला तांकां तातडीन कांय वैजकीय नदरेन निर्दिश्ट कक्षांत (डिलक्स) दाखल केलेअशें आयज सादर केल्ल्या वैजकीय अहवालांतल्यान दिसून येता. खास म्हणल्यार, सादर केल्ल्या कागपत्रांतल्यान आपत्कालीन प्रवेश सल्लो अर्जाचेर खोडून तो थेट प्रवेश सल्लो अर्ज केल्ल्याचें दिसून येता आनी थंयसरले बॅड क्रमांकूय परत परत बरयल्ल्यान वाचूंक योग्यनाशिल्ल्याचें दिसून येता. दुयेंतीचो हॉस्पिटलांत रावपाचो अपेक्षीत कालावधी शुन्य आशिल्ल्याचें सादर केल्ल्या प्रवेश अर्जांतल्यान दिसता. पल्मोनरी ट्रॅक्ट संसर्गाचे शक्यतेक लागून आरोपी व्यक्तीक हॉस्पिटलांत दाखल केलो, हें जरी मान्य केलें तरीय, ह्या न्यायालयान वयर नमूद केल्ले प्रतिकूल निश्कर्श पयस जायनात. सक्तीचे तपासणी खातीर न्यायालयीन स्थानबद्धते वरवीं आरोपी व्यक्तीक बळजबरीन वांटेकार करप आतां अटळ आनी अपरिहार्य आशिल्ल्याचें दिसून येता."

7. वयलीं तथ्यां आनी परिस्थिती आनी अंतरीम जामीन रद्द करतना मानादीक खास न्यायाधिशांनी नोंद केल्लीं निरिक्षणां हांचे फाटभुंयेर, ह्या न्यायालयाच्या **अनुपम जे. कुलकर्णी (वयर उल्लेखीत )** ह्या प्रकरणांतलो निर्णय विचारांत घेवप गरजेचें आसा.

7.1 हें खरें आसा की, **अनुपम जे. कुलकर्णी (वयर उल्लेखीत)**ह्या प्रकरणांत ह्या न्यायालयान नोंद केला, अटकेचे तारखे सावन 15 दिसां परस अदीक काळ कोठडी दिवूंक मेळची ना. आमच्या मतान, **अनुपम जे. कुलकर्णी (वयर उल्लेखीत)**ह्या प्रकरणांत ह्या न्यायालयान व्यक्त केल्ल्या मताचो फेरविचार करपाची गरज आसा. जेन्ना आमी प्रतिवादी – आरोपींचे मार्फत उपस्थीत वरिश्ठ वकील श्री. निरज किशन कौल हाका सामको समर्पक प्रस्न विचारलो, एखाद्याप्रकरणांत अशें जांवक शकता, विद्वान न्याय चवकशी/ खास न्यायालयान चुकीचे पद्दतीन पुलीस कोठडी दिवूंक न्हयकार दिला, जाची विनंती 15 दिसां भितर आनी / वा अटकेचे तारखेच्या

दिसा ताबोडतोब केल्या आनी ताचे उपरांत न्याय चवकशी / खास न्यायालयान पारीत केल्ल्या आदेशाक तपास यंत्रणेन वरिश्ठ म्हणल्यार सत्र न्यायालया मुखार वा उच्च न्यायालया मुखार आव्हान दिलां आनी वरिश्ठ न्यायालयान पुलीस कोठडी दिवंक न्हयकार दिवपाचो विद्वान दंडाधिकाऱ्याचो निर्णय बदल्ला आनी तो मेरेन 15 दिसांचो कालावधी संपुश्टांत आयला, तेन्ना कितें स्थिती आसतली विद्वान वरिश्ठ वकील न्यायालयाच्या प्रस्नाक जाप दिवूंक शकना.

8. अशें आसलें तरीय, सद्याच्या प्रकरणांतलीं तथ्यां सामकीं स्पश्ट आसात. तारीख 16.04.2021 विद्वानखास न्यायाधिशांनी प्रतिवादी – आरोपीक सात दिसांची म्हणल्यार तारीख 22.04.2021 मेरेन पुलीस कोठडी मंजूर केल्ली आसतानाय, प्रतिवादी – आरोपीन पुलीस कोठडीच्या कालावधींत म्हणल्यार तारीख 18.04.2021 दिसा स्वताक हॉस्पिटलांत दाखल करून घेतलो आनी तारीख 21.04.2021 दिसा अंतरीम जामीन मेळयलो, जो तारीख 08.12.2021 मेरेन वाडयलो. आरोपीन ताका मेळिल्ल्या स्वातंत्र्याचो गैरवापर केला आनी अंतरीम जामिनाच्या कालावधींत ताणें तपास यंत्रणेक सहकार्य करूंक ना अशें निरिक्षण नोंद करून खास न्यायाधिशांनी ताचो अंतरीम जामीन रद्द केलो. पुनरावृत्ती जावपाची शक्यताय स्विकारून, सात दिसांची पुलीस कोठडी दिवपाच्या प्राथमीक आदेशाक निमाणें स्वरूप प्राप्त जाल्लें, अशें निरिक्षण नोंदयलें. मात, आरोपीन तारीख 18. 04. 2021 दिसा स्वताक हॉस्पिटलांत दाखल करून घेतलो आनी ताचे उपरांत तारीख 21. 04. 2021 दिसा अंतरीम जामीन मेळयलो ह्या वयल्या कारणांक लागून आपल्या बाजून वैध आदेश आसुनूय, सीबीआयक पुलीस कोठडींत आरोपीची चवकशी करूंक मेळूंक ना. अशे तरेन विद्वान खास न्यायाधिशांनी दिल्ल्या पुलीस कोठडीच्या आदेशाची पुराय अंमलबजावणी प्रतिवादी – आरोपीन यशस्वी रितीन टाळ्ळी. खंयच्याच आरोपीक तपास आनी / वा न्यायालयाचे प्रक्रिये कडेन खेळपाची परवानगी दिवंक शकना. खंयच्याच आरोपीक ताच्या वर्तनान न्यायालयीन प्रक्रिया निश्फळ करपाची परवानगी दिवंक मेळना. सत्य उक्ताडार हाडपा खातीर, तपास यंत्रणेन मेळयल्ले कोठडींतले चवकशीचो / तपासाचो अधिकार हो लेगीत खूब म्हत्वाचो अधिकार आसा, जाका आरोपीन जाणीवपूर्वक आनी यशस्वीपणान निश्प्रभ

करपाचो यत्न केला, ही बाब निर्विवाद आसा. ताका लागून, सीबीआयक उरिल्ल्या सात दिसांच्या कालावधी खातीर पुलीस कोठडींत चवकशी करपाची परवानगी दिवूंक ना जाल्यार, न्यायालयीन प्रक्रिया निश्फळ थारावूंक यशस्वी थारिल्ल्या आरोपीक उत्तेजन मेळटलें.

9. आतां जो मेरेन सहआरोपींनी दाखल केल्ली खास अनुमती याचिका (फौजदारी) क्र. 1620-1621/2021 ह्या न्यायालया मुखार प्रलंबीत आशिल्ले विशीं आरोपीचे वतीन केल्ल्या निवेदनांचो आनी 'तांतूतल्या याचिकाकर्ता विरोधांत कसलींच कडक कारवायेचीं पावलां उबारचीं न्हीं', ह्या अंतरीम आदेशाचो संबंद आसा, जाल्यार सहआरोपींच्या सांगण्या वयल्यान केल्ली खास अनुमती याचिका प्रलंबीत आसपाचो प्रस्तूत प्रकरणा कडेन कसलोच संबंद ना, हाची नोंद घेवप आवश्यक आसा. प्रस्तूत प्रकरणांतलो आरोपी – विकास मिश्रा हांणी प्रत्यक्षांत अशीच एक खास अनुमती याचिका दाखल केल्ली, पूण कायद्या प्रमाणें उपलब्ध आशिल्ल्या उपायांक अनुसरून स्वातंत्र्य राखून प्रतिवादी – आरोपीक खास अनुमती याचिका दाखल करपाची परवानगी दिवूंक ह्या न्यायालयान न्हयकार दिलो,हेय गजालीची नोंद घेवप आवश्यक आसा.

10. वयल्यो गजाली मतींत घेवन आनी वयर नमूद केल्लीं कारणां लक्षांत घेवन, प्रस्तूत अपील यशस्वी थारता. अपीलकर्ता – सीबीआयक प्रतिवादीची चार दिसांची पुलीस कोठडी दिवपाची परवानगी दिता (विद्वान खास न्यायाधिशांनी तारीख 16.04.2021 दिसा पारीत केल्ल्या आदेशा प्रमाणें प्रतिवादी – आरोपीक सात दिसांची पुलीस कोठडी मंजूर केल्ली, जाल्यार वयर नमूद केल्ल्या कारणांक लागून, सीबीआय प्रतिवाद – आरोपीची फकत अडेच दिसांच्या कालावधी खातीर चवकशी करूंक शकले आनी ताका लागून सात दिसांचे पुलीस कोठडींतल्या पुराय कालावधीचे चवकशेच्या अधिकाराचो वापर करूंक शकले ना, ही गजाल विचारांत घेवन).

11. ते प्रमाणें, तात्कालीक अपील वयर उल्लेखीत मर्यादे मेरेन मंजूर करता.

**अपील मान्य**

**अस्विकरण**

*ह्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी भाशेंतल्या ह्या अणकाराचो वापर हो पक्षकाराक ताचे/तिचे मायभाशेंत ताचो अर्थ समजून घेवपा पुरतोच मर्यादीत आसतलो आनी ताचो हेर खंयच्याच कारणा खातीर वापर करूंक मेळचो ना, तशेंच इंग्लीश भाशेंतलो न्यायनिर्णय होच सगळ्या वेव्हारीक आनी कार्यालयीन वापरा खातीर विश्वासनीय आसतलो आनी तोच तातूंतल्या आदेशाच्या कार्यान्वयन आनी अंमलबजावणे खातीर वैध मानतले.*

**TRANSLATED BY DIRECTORATE OF OFFICIAL LANGUAGE, PANAJI, GOA**